# पारदर्शकता, जबाबदारी आनी सुशासना खातीर माहिती हक्क कायदो एक शक्तिशाली साधन

ता. 21 फेब्रुवारी 2025

पारदर्शकता, जबाबदारी आनी सुशासनाक चालना दिवपा खातीर माहिती हक्क कायदो हे एक शक्तिशाली साधन आसा, अशें केंद्रीय मुख्य माहिती आयुक्त श्री हिरालाल समारिया हांणी सांगलें. समारिया आयज पाटो पणजी हांगा गोंय राज्य माहिती आयोगाच्या सुदारित वेबसायटीचे उक्तावण केले उपरांत उलयताले.

गोंय राज्याचे मुख्य माहिती आयुक्त श्री अरविंद कुमार एच. नायर, राज्य माहिती आयुक्त श्री आत्माराम आर. बर्वे, आयुक्त आनी सचीव (म्हायती आनी प्रसिध्दी) श्री रमेश वर्मा, गोंय राज्य माहिती आयोगाच्यो सचीव श्रीमती सरिता गाडगीळ आनी म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे संचालक श्री दीपक बांदेकर ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

श्री समारिया हांणी फुडें सांगलें की लोकशाय वेवस्थेत मतदारांक सरकारच्या कामांची माहिती आसप गरजेची आसा आनी सरकारी कामांनी पारदर्शकता राखपाक माहिती अधिकार कायदो एक म्हत्वाचे साधन म्हूण काम करता. सरकारी कामांनी पारदर्शकता आसल्यार संबंदीत अधिकाऱ्याची जबाबदारी वाडटा आनी योग्य निर्णय घेवपाक कृती करची पडटा आनी ताचो परिणाम म्हळ्यार सुशासना वाडीक लागता. प्रशासन हे फकत कार्यक्षमच आसून जायना तर नागरिकांच्यो गरजो पूर्ण करपाचेर भर आसपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.

राज्याचे मुख्य माहिती आयुक्त श्री. अरविंद कुमार एच. नायर हांणी ह्या वेळार उलयतना सांगलें की आयोगा मुखार प्रलंबित आशिल्ली प्रकरणां निकालांत काडप हे आमचे प्राधान्य आशिल्ल्याचें सांगून 2025 मेरेन सगळीं प्रलंबित प्रकरणां निकालांत काडपाचे उद्दीश्ट आशिल्ल्याचे सांगलें. प्रत्येक प्रकरणाच्या बाबतीत कमीत कमी सुनावण्यांची मर्यादा दवरून प्रकरणां निकालात काडपाचे आमचे ध्येय आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

राज्य माहिती आयुक्त श्री आत्माराम आर. बर्वे हांचेय ह्या वेळार भाशण जाले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/165

---

Issued by the
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.